<u>आकाशवाणी पणजीच्या</u>

<u>प्रादेशिक खबरा</u>

<u>National News</u>

<u>Akashwani Panaji</u>

15th August 2026 6.30 p.m.

PM Vande Mataram

राष्ट्र आयज 80वो स्वतंत्रताय दीस मनयता. दिल्लीच्या प्रतिकात्मक तांबड्या किल्ल्यांतल्यान स्वतंत्रताय दिसाच्या उत्सवाचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फुडारपण केलें.

देशाक स्वतंत्रताय मेळ्ळ्या उपरांत, पयलेच खेपे १५ ऑगस्ताक वंदे मातरम तांबड्या किल्ल्यार प्रतिध्वनीत जाता, आनी हो एक इतिहासीक खीण. आयज जेन्ना आमी भारताचे नागरिक वंदे मातरमाचीं 150 वर्सां मनयतात, तेन्ना हाचे परस व्हडलो उत्सव कितें आसूं येता . राष्ट्र व्हडा उमेदीन आनी नव्या संकल्पांनी मुखार सरता अशें तांबड्या किल्ल्याच्या प्राचीरांतल्यान राष्ट्राक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें.

PM Achievement

फाटल्या बारा वर्सांत देशांतल्या नागरिकांनी आपल्या निर्धारान आनी समर्पणान देशाक नव्या तेंगशेर व्हरपाचे सगळे यत्न केल्यात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी मेळिल्ल्या कामगिरीचेर भर दितना, फाटल्या 12 वर्सांत संरक्षण उत्पादनांत सुमार चार पटींनी, खादी आनी गांव उद्देग उत्पादनांत सुमार पांच पटींनी, इलॅक्ट्रॉनीक उत्पादनांत सुमार सात पटींनी, आधुनीक रेल्वे डबे तयार करपाक 21 पटींनी , आनी मोबायल फोन उत्पादनांत 33 पटींनी वाड जाल्या. इंटरनॅट वापरपी सुमार चार पटींनी आनी डिजिटल वेव्हारांत शंबर पटींनी वाड जाल्या अशें तांणी मुखार सांगलें.

PM coaching classes

वेगवेगळ्या भौशीक परिक्षे खातीर गरीब आनी मध्यमवर्गीय कुटुंबांक फुकट ऑनलायन प्रशिक्षण दिवपाची घोशणा प्रधानमंत्री मोदी हांणी केल्या. आमचे कडेन बरी डिजिटल भौशीक मुळावी बांदावळ, बरी प्रतिभा आनी शिक्षक आसात, हे सगळे संसाधन एकठांय हाडून , आमी ह्या देशांतल्या तरणाट्यांक फुकट प्रशिक्षण दिवपाक नेटवर्क तयार करतले. उंचेल्या पांवड्यावेल्या शिक्षकांच्या फुडारपणा खाला दर्जेदार शिक्षण सगळ्यांक मेळपा खातीर हें एक क्रांतीकारी पावल. हाका हाका लागून कोचिंग वर्गांचेर खर्च जावपी मध्यमवर्गीय लोकांचे हजारांनी कोटी वाचतले.

फुडल्या वर्सा एक कोटी तरणाट्यांक AI कुशळटायेचें प्रशिक्षण दिवपाचें सरकारान थारायलां. हाका लागून तांकां जागतीक एआय क्षेत्रांत फुडाकार घेवंक मेळटलो. खर्च, दर्जो आनी कुशळटाय ह्या तीन गजालींचेर देशाक लक्ष केंद्रीत करचें पडटलें अशें प्रधानमंत्र्यांनी मुखार सांगलें.

PM – Critical Minerals

महत्वाच्या खनिज मळार भारत एक विस्वासपात्र जागतीक भागीदार म्हूण उदेता, जायत्या देशां कडेन कबलाती जाल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

आधुनीक तंत्रज्ञान पुरायपणान महत्वाच्या खनिजांचेर आदारून आसा, आनी भारत ह्या क्षेत्रांत आपली सुवात सुरक्षीत करपा खातीर सक्रीयपणान वावुरता अशें सांगून प्रधानमंत्री हांणी महत्वाच्या खनिजांचेर सरकारान लक्ष केंद्रीत केल्ल्याचेर भर दिलो. तांणी भारतान National Critical Minerals Mission सुरू केल्ल्याची आनी Critical Mineral Corridor टाची घोशणा केली. जायत्या देशां कडेन कबलाती जावपाक लागल्यात, आनी संवसारभरांतले राश्ट्र भारताचेर चडांत चड विस्वास दवरपाक लागल्यात अशें मोदी हांणी सांगलें.

PM Sports

२०36 वरसाचे ऑलंपिक खेळाखातीर, भारतांतल्या भुरग्यांच्या खेळां प्रतिभेचो सोद घेवपा खातीर, पांच ते पंदरा वर्सा पिरायेच्या भुरग्यांखातीर, आमी वेगवेगळ्या, शाळांनी, गांवांनी आनी शारांनी प्रतिभा शिकार सोद मिशन घडोवन हाडटले अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

IMD

हवामानांत, भारत हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडाच्या काय सुवातींनी व्हडा प्रमाणान पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच ईशान्य भारत, छत्तीसगढ, उदेंत राजस्थान, गंगेटिक, अस्तंत बंगाल, गुजरात, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, महाराष्ट्र, ओडिशा, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भा ह्या वाठारांनी मध्यम ते व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यानं उक्तायल्या

Sports

खेळांत, दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी श्रीलंका हांचे 3 खेळा माळेंतलो पयलो कसोटी खेळ आयज श्रीलंकेंतल्या Galle आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर पावसाक लागून बंद पडलो. आयच्या दिसाक भारतान कुरुबावलो जिखून फलंदाजी करपाचें थारायले 2 गाडी व्हागडावन 288 धावडयो काडल्यात

ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखवले राष्ट्रीय खबरपात्र तुमका आयकुपाक मेळटले फाल्या सकाळी 8 जावन 40 मिनटांचेर.

नमस्कार